आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

**12.04.2025 @ 7.20 pm**

प्रादेशिक खबरा विभागा

भारतरत्न डो.बाबासाहब आंबेडकार हांच्या जयंतीच्या फांटभुयेर भाजप पक्षावतीन 13-25 एप्रिल मजगती वेगवेगळ्या कार्यावळीचे आयोजन केला

देशभरा सयत गोयातुय भगवान हनुमानाचो जलमोतस्व व्हडा भक्तीभावान मनयलो.

गोयचे पंढरपूर म्हणून फामाद आशिल्ल्या विठ्ठलापूर साखळीत फाल्यां श्री विठ्ठल मंदिरात चैत्र उत्सव सुरू जातलो

गोंय शालांत मंडळान १० वे खातीर आयज सावन पुनर्मूल्यांकन वा फेरतपासणी खातीर अर्ज करूंक आपले पोर्टल उक्ते केलां

14 एप्रीलाक भारतरत्न डो.बाबासाहब आंबेडकार हांच्या जयंतीच्या फांटभुयेर भाजप पक्षावतीन 13-25 एप्रिल मजगती वेगवेगळ्या कार्यावळीचे आयोजन केला.13 एप्रिलाक वेगवेगळ्या वाठारात आशील्ले बाबासाहेबांचे पूतळे नितळ करप तशेंच पुतळ्या सामकार मेणवाती पेटोवन तांका आर्गा दीवपाची कार्यावळ जातली.जाल्यार 14 एप्रीलांक भारतीय जनता पार्टीच्या कार्यालयांनी आंबेडकर जयंती मनयतले अशी म्हायती भाजपाचे सरचीटणीस आनी ह्या कार्यावळीचे संयोजक ॲड.नरेंद्र सावयकार हांणी दीली.ते पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले.ह्या कार्यावळी सयत 21 एप्रिलाक मडगांव आनी 22 एप्रिलाक म्हापसा बाबासाहेब

आंबेडकर हांचे देशा खातीरच्या योगदाना वीशीची म्हायती दीवपी खासा परीशदेचे आयोजन केला अशी म्हायती सावयकार हांणी दीली.बाबासाहेब आंबेडकार हांणी देशाक एक घटमुट संविधान दीले, ताणी दलीत समाजाच्या उदरगती खातीर काम केले. बांयलांक हक्क दीवप,शिक्षण क्षेत्र,तशेच अर्थिक मळार तांणी केल्ले काम महत्वाचे आसा,आनी तांच्या ह्या कामाची म्हायती आयच्या पीळगे मेरेन पावपाक जाय अशे मत ह्यावेळार भाजपाची राश्टीय सचीव अल्का गुजर हीणे म्हणले.

पुराय राज्यावांगडा दक्षिण गोंयांतय हनुमान जनमाचो उत्सव आयज व्हडा उमेदीन आनी भक्तीभावान मनयलो. दक्षिण गोंयांतल्या वेगवेगळ्या हनुमान मंदिरांनी ह्या निमतान आयज सकाळसावन धार्मिक कार्यावळी चालू आशिल्ल्यो. दक्षिण गोंयांतलो सगल्यांत व्हडलो हनुमान जनमाचो सुवाळो काकोडे कुडचडे हांगाच्या मारुतीगड संस्थानात जालो. ह्या निमतान सकाळी ६.३० वरांचेर फातोडेर धार्मिक कार्यावळीनी हनुमान जल्माची कार्यावळ जाली. मडगांवां दवर्ली, पेड-खारेबांद, शेल्डे-केपे हांगाच्याय  मारुती मंदिरात जन्मोत्सवाची कार्यावळ जाली.

फोंडा तालुक्यातल्या वेगवेगळ्या मारुती मंदिरात आयज हनुमान जलमाचो उत्सव व्हडा उमेदीन आनी भक्तीभावान मनयलो. ह्या निमतान आयज सकाळसावन धार्मिक कार्यावळी सुरू आशिल्ल्यो. वारखंडे हांगा त्यानिमित्तान हनुमानाची पालखी पुराय फोंडा शहरात भोवली. बोरीच्या मारुती गडाचेर हनुमान जल्माच्या म्हूर्ताच्या आदी कीर्तन जाले. कवळेच्या मारुती गडाचेर, महालसा मंदिर म्हार्दोळ , बोरीच्या नवदुर्गा मंदिरात मारुतीच्या मुर्तीचेर अभिषेक करून उपरांत सकाळी मारुती जल्माचो  पाळणो जालो.

दिवचल म्हालांतल्याविठ्ठलापुर,गिमोणें ळगांव,वरगांव,मये,नार्वे,मुळगांव, दिवचल, कारापुर, हरवळें आनी हेर मारुतीच्या मंदिरानी आयज वेगवेगळ्या देवळांनी हनुमान जलमोत्सवा निमतान  विंगड विंगड कार्यावळी जाल्यो .

राजधानी पणजी सयत राज्यांतल्या जायत्या सुवातींनी हनुमान जलमोत्सव उमेदीन मनयलो . ह्या निमतान वेगवेगळयो  धर्मीक आनी सांस्कृतीक कार्यावळी आयोजीत केल्ल्यो.पणजेच्या मारुती गड हांगा हनुमान जलमोत्सव निमतान भजन आनी कीर्तना उपरांत हनुमान जल्म सुवाळो जातालो.

गोयचे पंढरपूर म्हणून फामाद आशिल्ल्या विठ्ठलापूर साखळीत फाल्यां श्री विठ्ठल मंदिरात चैत्र उत्सव सुरू जातलो. फाटले स दीस देवळात विंगड विंगड धार्मिक तशेच सांस्कृतिक कार्यावळींचे आयोजन चालू आसात. चैत्र उत्सवाच्या निमित्तान विठ्ठलापुर साखळेच्या श्री विठ्ठल मंदिरात सकाळी धार्मिक विधी ,पूजा पाठ ,तीर्थप्रसाद, कीर्तन प्रवचन यासारख्यो कार्यावळी आयोजित केल्यात. फाल्यां फांतोडेर पाच वरांचेर गोयचो फामाद पारंपरिक वीरभद्र सुवाळो जातलो .उपरांत राणे परिवाराच्या तर्फे आनी मानकरांच्या तर्फे रथोत्सव जाले उप्रांत चैत्रोत्सवाची सांगता जातली.

गोंय शालांत मंडळान १० वेचो निकाल जाहीर केले उपरांत आता आयज सावन पुनर्मूल्यांकन वा फेरतपासणी खातीर अर्ज करूंक आपले पोर्टल उक्ते केलां. ज्या विद्यार्थ्याक आपल्या पेपराची फोटोकॉपी पळोवपाची आसा तांका दर विषयाक ३५०/ - रुपया शुल्क भरून तसो अर्ज १५ एप्रिल मेरेन करचो पडटलो. पेपराच्या फेरतपासणी खातीर दर पेपरा फाटल्यान सातशे रुपया भरून १९ एप्रिल अर्ज करपाची मेकळीक आसा. आपल्या उत्तर पत्रिकेची फोटो कॉपी पळोवन समाधान जावंक ना आनी आपल्याक चड गुण मेळू येता अशें दिसत जाल्यारच त्या विद्यार्थ्यान फेरतपासणी खातीर अर्ज करचो आनी मंडळाचो आनी आपलो वेळ वाटोवचो अशें आवाहन मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी केला. गोंय शालांत मंडळाची १० वेची पुरवणी परीक्षा ५ मे दीसा सावन सुरू जातली.

खासदार सदानंद तनवाडे हांणी आयज दनपारां ताळगांवच्या श्यामप्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर चलपी पयल्या गोंय वेवसायीक सुरक्षीतताय आनी भलायकी एक्स्पो आनी शिखर सभेची पळोवणी केली तशेंच तांणी कांय प्रात्यक्षिकाय पळयली आनी एक्स्पोंतल्या वेगवेगळ्या स्टॉलांची पळोवणी केली. पयल्या गोंय वेवसायीक सुरक्षीतताय आनी भलायकी एक्स्पो आनी शिखर सभेत व्हड प्रमाणांत विद्यार्थी, तज्ञ, उद्देजक आनी वेवसायीकांनी वांटो घेतला. 10 तारखेक मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी ह्या एक्स्पोचें उक्तावण केलें आनी आयज तिसरो आनी निमाणो दीस. असो एक्स्पो गोंय खातीर उपेगी पडटा आनी नव्या तंत्रगिन्यानाची आनी उपकरणां विशीं म्हायती मेळटा अशें तनावाडे हांणी सांगलें

तापमान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **34.6** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **24.6** डिग्री सेल्सिअस दाबोलेत आनी हवेतली आर्द्रता **85 %** नोंद जाला**.** राज्यात फुडले चार दिस **35-26** डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि आज पावस पडपाची शक्यताय अस्स आनी फुडले चार दिस हवामान वताळ आसले तरिय काय दुर्गम वाठरांनी दमट उष्ण तापमान आसू येता **.** वारे वराक **45** ते **50** ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले देखून नुसते मारानी खोल दर्‍यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला

**DIP**

राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हाणी गोंयच्या लोकांक बैसाखी निमित्त खास करून शीख बांधवांक हार्दिक शुभेच्छा दिल्यात. राज्यपालान आपल्या संदेशांत म्हळां**,** की **"**बैसाखी हो शीख समाजाचो एक म्हत्वाचो उत्सव जो व्हड उमेदीन मनयतात. 1699 वर्साच्या ह्याच दिसा धावे शीख गुरू, गुरू गोविंद सिंग हाणी खालसा पंथची थापणूक केली म्हणून ताका व्हड धर्मीक म्हत्व आसा. बैसाखी उत्सवाक लागून शीख समाजाच्या नव्या वर्साचीय सुरवात जाता. भारतांत धर्मीक**,**

सांस्कृतीक, आध्यात्मिक आनी समाजीक म्हत्वाचे जायते उत्सव आनी परंपरा आसात, खोशी आनी उमेद हाडपा वांगडाच राश्ट्रीय एकचार आनी समाजीक एकचार वाडोवपाक उत्सवांचो म्हत्वाचो वांटो आसा. अंदूच्या बैसाखी उत्सवाक लागून सगळ्यांक चड सुख आनी समृध्दी मेळची अशी आस्त राज्यपालांनी उक्तायली.

**DIP**

गोंय वीज खातें गोंय उर्जा विकास एजन्सी (गेडा) वांगडा छप्पराचेर सौर यंत्रणे खातीर प्रोत्साहन दिवप, बायोगॅस प्लांटांक अनुदान दिवपा सयत वेगवेगळ्या येवजण्यां वरवीं निवळ रांदपाक उरबा दिता. राज्यांतल्या स तालुक्यांतल्या 650 अंगणवाड्यांक इंडक्शन कुकटॉप वांटपा खातीर आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत उलयतना गोंय विनामूल्य  वीज येवजण आनी इलेक्ट्रीक मोबिलिटी प्रमोशन पॉलिसी ह्या उपक्रमां वरवी  इलेक्ट्रीक रांदचे कुडीचे  दिकेन वचपाचेरूय लक्ष केंद्रीत करता अशें उर्जा मंत्री रामकृष्ण उर्फ सुदीन ढवळीकार हांणी सांगलें. ऊर्जा खात्यान उर्जा कार्यक्षमताय ब्युरोच्या सहकार्यान आयज पर्वरीत सचिवालयांतल्या सेमिनार हॉल ही कार्यावळ घडोवन हाडली. उर्जेचे स्त्रोत म्हत्वाचे आशिल्ल्यान तांची जतनाय घेवप आनी तांचो योग्य वापर करप गरजेचें आसा अशें मंत्री ढवळीकार हांणी सांगलें. निवळ रांदपाच्या कार्यावळीचो एक भाग म्हूण इंडक्शन कुकटॉप दिले. हे येवजणेचो फायदो सत्तरी, बिचोली, बार्देझ, फोंडा, सालसेट आनी क्वेपे ह्या स तालुक्यांतल्या आंगनवाडीक जातलो. फुडल्या टप्प्यांत हेर तालुक्यांतल्या उरिल्ल्या आंगनवाडींचो हे येवजणे खाला आस्पाव जातलो. नोडल अधिकारी राज्य नियुक्त एजन्सी आणि अधीक्षक अभियंता वीज विभाग, मयूर हेदे आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

**DIP**

१४ एप्रिल, २०२५ दिसा सकाळच्या ९.०० वरांचेर अग्नीशामक दळ प्रशिक्षण मैदान, सांतिनेज-पणजी हांगा जावपी राष्ट्रीय अग्नीशामक सेवा दीस सुवाळ्याक मुखेल मंत्री डॉ. प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे आसतले आनी मुखेल सचीव आयएएस डॉ. वी. कानदीवेलू मानाचे सोयरे आसतलें अशी माहिती उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा संचालक नितिव रायकर हाणी दिल्या.

१९४४ वर्साच्या मुंबय गोदी स्फोटांत आपल्या प्राणाचे बलिदान दिल्या धाडसी उजो पालोवपी दळाच्या जवानांक श्रद्धांजली ओपपा खातीर भारत दर वर्सा १४ एप्रीलाक राष्ट्रीय उजो पालोवपी दीस मनयता.हो दीस फकत तांच्या धाडसाचो उगडास करतात अशें न्हय तर आयच्या नेटान विकसीत जावपी शारी परिदृश्यांत उजो पालोवपा विशी जागृताय, तयारी आनी आळाबंदा हाडपाच्या प्रतिबंधात्मक धोरणांचे महत्त्व कितलें आसा हाचीय एक याद करून दिवपी काम करता. राष्ट्रीय उजो पालोवपी सेवा दीस 2025 चो विशय, "कम टुगेदर टू इग्नाइट, फायर सेफ इंडिया" हो विशय सामुहीक जापसालदारकेची खर गरज उजवाडायता

ह्या निमतान उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालय 14 एप्रिल ते 20 एप्रिल 2025 मेरेन सप्तकांत प्रभावी कार्यावळींच्या माळे वरवीं उजो पालोवपाची सुरक्षीतताय वाडोवपाच्या राष्ट्रीय मोहिमेत काय कार्यावळी आयोजित करतात

शाळांनी, कामाच्या सुवातींनी आनी निवासी संकुलांत उजो पालोवपाची अभ्यासक्रम अंतर्गत विद्यार्थ्यांक, कर्मचाऱ्यांक आनी अग्निसुरक्षा तंत्रांत प्रशिक्षित करपाक परस्परसंवादी सत्रा आयोजित करतले.

उजो पालोवपा विशीं भौशीक जागृताय मोहीम: टाळता येवपी अपघात उणे करपा खातीर गरजेच्या उजो सुरक्षेच्या पद्दतींचेर भर दिवपा खातीर सोशल मिडिया, प्रिंट माध्यमां, आनी समुदाय कार्यशाळा वापरून भौशीक प्रसार कार्यावळी. उजो सुरक्षीतताय तंत्रज्ञान प्रदर्शनां: भौशीक आनी खाजगी आस्थापनांनी उजयाचो सोद घेवप, आलाबद हाडप आनी बचवच्या उपकरणांचे नवीनतम प्रगतीचें प्रदर्शन करप

उजो पालोवपी दळाच्या समर्पण आनी धाडसाक मान दिवप: उजो पालोवपी दळाच्या निस्वार्थ सेवेची आणि जीवित आणि मालमत्तेचे रक्षण करपाक त्यांच्या 'महत्वाच्या भूमिकेची' दखल घेवपाक सन्मान समारंभ आयोजित करतले.

नमस्कार